Panaji regional news 07.09.2025, 7.20pm

200 एअर इंडिया

पणजी: एअर इंडियान गोंय आनी लंडन-गॅटवीक मजगतींची सरळ विमानसेवा परत एक फावट रद्द केल्या. ह्यान पयलीं ही सेवा २६ ऑक्टोबर सावन परत सुरू जावपाची आशिल्ली आनी ते खातीर बुकींगूय सुरू केल्लें. मात आतां हें बुकींग आडायलां. हाका लागून गोंयच्या पर्यटन उद्देगाक धक्को बसला. म्हणून प्रवाशांचीय व्हड प्रमाणांत गैरवेवस्था जातली.

एअर इंडियान आपल्या शिंयांतल्या (२०२५-२६) वेळापत्रकांतल्यान गोंयांक भायर मारलां. तातूंत लंडन-गॅटवीका खातीर अमृतसर आनी अहमदाबादची विमानसेवा कायम दवरल्या. सुत्रां प्रमाण, अहमदाबादांत जाल्ल्या विमान अपघाता उपरांत एअर इंडियान आंतरराष्ट्रीय मार्गांवेल्या व्हड विमानांच्या आंकड्यांत १५% कपात केल्या. हाचो फटको गोवा-लंडन मार्गाक बशिल्ल्याचें दिसता.

या निर्णया फाटल्यान वेवसायीक कारणांय आशिल्ल्याचें सांगतात. एअर इंडियान ज्या मार्गांचेर वर्सभर सेगीत बरी मागणी केली, अशा मार्गांक प्राधान्य दिलां. अमृतसर आनी अहमदाबादच्यान इश्ट, कुटुंबीयांक मेळपाक वचपी प्रवाशांचो आंकडो चड आसता. हाचे बदला, गोंयच्या पर्यटन हंगामा प्रमाण मागणी उणी-चड जाता. हाका लागून, फायद्याक प्राधान्य दिवन एअर इंडियान हो निर्णय घेतिल्ल्याचें मानतात.

ह्यान पयलीं, गोंय-लंडन विमानसेवा जुनांत बंद केल्ली. उपरांत गोंयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत आनी खासदार सदानंद तानवडे हांणी केंद्रीय हवाई येरादारी मंत्री राम मोहन नायडू हांकां पत्र बरोवन ही सेवा परत सुरू करपाची मागणी केल्ली. खुबशे गोंयचे नागरीक नोकरी निमतान वा हेर कामां खातीर लंडनाक यो-वच

करतात, हाका लागून ही सेवा म्हत्त्वाची आशिल्ल्याचें तांणी नमूद केल्लें. मात, आतां एअर इंडियाच्या ताज्या निर्णयाक लागून प्रवाशी परत उबगल्यात

## मनसुख मांडवीय

देशांत सायकलाचेर आयतारा एक चळवळ जाल्या अशें युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी आयज सांगलें. फिट रावपा खातीर आनी स्वदेशीचो प्रचार करपा खातीर 50 वयर खासदारांनी ह्या कार्यावळींत वांटो घेवन स्वदेशीचो संदेश राष्ट्रा मेरेन पावयलो अशें तांणी सांगलें. नवी दिल्लींत भारतीय रेल्वेच्या सहकार्यान गरव से स्वदेशी ह्या विशयाचेर फिट इंडिया: संडेज ऑन सायकल ह्या कार्यक्रमांत वांटो घेतना मंत्री हांणी अशें सांगलें. देशभरांतल्या आठ हजारां परस चड सुवातींनी ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या अशें तांणी सांगलें. सायकल हो फिट इंडियाचो संदेश अशें तांणी सांगलें; तो सगळयांत बरो व्यायाम, आनी तो प्रदुशणाचेर उपाय. जीएसटी सुदारणां विशीं उलयतना सायकलींचेर जीएसटी 18 टक्क्यां वयल्यान 5 टक्क्यां मेरेन उणी केल्या अशें मंत्र्यान भर दिलो.

## अनुसुचीत जमाती

राज्य सरकाराच्या अनुसुचीत जमाती खात्यान आपल्यो येवजण्यो आदिवासी लोकां मेरेन पावपा खातीर खाशेली मोहीम सुरू केल्या अशी म्हायती दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयान दिल्या. सरकाराच्या म्हत्वाच्या कार्यावळी प्रमाण ' धरती आबा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष ' अभियाना खाला आदिवासी लोकांक तांची येवजण खूब सोंपेंपणान मेळपाक मार्गदर्शन करतले. तळागाळांतल्या अनुसुचीत जमातीच्या भावांक आपल्याक उपलब्ध आशिल्ल्या सगळया येवजण्यांची जाणविकाय जावची म्हणून ही मोहीम चालीक लायतात. हे संबंदी गट उदरगत अधिकाऱ्यांक ८ ते १० सप्टेंबर मेरेन मडगांवच्या माथानी

साल्ढाणा प्रशासकीय संकुलांत खाशेलें प्रशिक्षण दितले अशी म्हायती दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयान दिल्या.

**प्रधानमंत्री नरेंद्र**

श्री नारायण गुरूच्या जयंती दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आपली नदर आनी समाजाचेर जावपी परिणामाचो उगडास केलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें की, आपली समता, करुणा आनी सार्वत्रिक भावपणाची शिकवण व्हड प्रमाणांत प्रतिध्वनीत जाता. नारायण गुरूचो समाजीक सुदारणा आनी शिक्षण फुडें व्हरपाचो उलो पिळग्यांक प्रेरणा दिता अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.

**गवंडाळे पूल** 100

गवंडाळी रेले उड्डाण पुलाचे लागी लागी 25 टक्के काम पुराय जाला, अशी म्हायती जीएसआयडीसीचे वेवस्थापक संदीप चोडणकार हांणी दिली. जानेवारी मेरेन पूलाचे काम पुराय करपाचे कंत्राटदाराचे येत्न आसा, अशें तांणी सांगलें.उड्डाण पुलाच्या सगळया खांब्यांच्या बुनियादीचो वावर जाला. आता खांबे उबारपाचे काम सुरू आसा. काम नेटान जावपा खातीर रस्तो बंद करप आवश्यक थारता. गवंडाळी उड्डाण पुलाखातीर 45 कोटी रूपया खर्चाची निविदा जारी जाल्या. पुलाचे काम नेटान जावपा खातीर 23 जुन सावन गवंडाळीचो रस्तो बंद करपाचो निर्णय जालो. आता सकाळी धा मेरेन आनी सांजे पाचा उपरांतूच रस्तो उक्तो आसता.पूलाचे काम फाटले वर्साच सुरू जावपाचे आसले. सेंट झेवीयर शव दर्शन सुवाळयाक लागून ते फुडें धुकल्ले.

## चंद्रग्रहण

रातच्या मळबांत पुराय चंद्रग्रहण दिसतलें म्हणून आयज रातीं एक दुर्मिळ आकाशीय घडणूक घडपाची आसा. दिल्ली, मुंबय, कोलकाता, बेंगळुरू सारक्या शारां सयत पुराय भारतांत तशेंच आशिया, ऑस्ट्रेलिया, उदेंत आफ्रिका, युरोपाच्या कांय वाठारांनी हें ग्रहण स्पश्टपणान दिसतलें. प्रसार माध्यमांच्या खबरां प्रमाण आयज रातीं सांजवेळा 8:58 वरांचेर सुरू जातलो आनी 8 सप्टेंबराक सकाळीं 2:25 वरांचेर सोंपतलो.हें गिराण एका दशकांतल्या सगळयांत लांब ग्रहणांतलें एक आसतलें, पुराय 82 मिनटां आसतलें आनी ही पुराय घडणूक पांच वरां परस चड काळ चलतली. धर्तरी सूर्य आनी चंद्र हांचेमदीं येवन चंद्राचेर सावळी घालता तेन्ना चंद्रग्रहण जाता. हें फकत पूर्ण चंद्राच्या काळांत, जेन्ना तिनूय आकाशीय पिंड एकदम जुळटात तेन्नाच जावंक शकता. धर्तरेच्या वातावरणांतल्यान सुर्याच्या उजवाडाक वांकून तांबडो चकचकीत जाता.

## साहित्य पुरस्कार २०२४

90

पणजी: एन. एम. सरस्वती बाई साहित्य पुरस्कार २०२४ वर्सा खातीर बायल लेखकांनी आपल्या देवनागरी लिपयेंत बरयिल्ल्यो कोंकणी साहित्यकृती सादरीकरणा खातीर नोंदणी करपाचें आमंत्रण दिलां. हें बायलांचें साहित्य कृती निबंद, प्रवास-वृत्तांत (प्रवास वर्णन), कविता वा लघुकथा ह्या मळार सृजनशील आसपाक जाय. पुरस्काराचें स्वरूप

ह्या पुरस्कारांत पंचवीस हजार रुपया रक्कम आनी प्रमाणपत्र. बायलां साहित्यीकांनी ३० सप्टेंबर पयलीं ह्या पुरस्कारा खातीर नांवांची नोंदणी करची.

तशेंच सचीव, कोंकणी भाषा प्रचार सभा, पालेस रोड, कोच्ची – ६८२००२ ह्या नाम्याचेर आपल्या कृतींच्यो चार प्रती धाडच्यो. चड म्हायती खातीर ९४९६२२६९२२ ह्या नंबराचेर संपर्क करचो, अशें आयोजकांनी कळयलां

100 फुटबोल

गोंय फुटबोल संघटणेन घडोवन हाडिल्ले तिसर्या विभागीय खेळांत युनायटेड कल्ब ओफ बाणावलीन दांडो बोयस क्लबाच्या पंगडाचेर २/० गोलानी जैत मेळयलें.हो खेळ बाणावलेच्या सेंट जोन दी बाप्तिस्त खेळा मैदानाचेर जालो.किगन फेर्नांडीस आनी सांतान डायस हाणी दरेकी एकेक गोल केलो.मजगती वार्का मैदानाचेर खेळयल्ल्या मेचींत वार्का स्पोर्टस् कल्बान कोलवेच्या सेंट एंथनी स्पोर्टस क्लबाचेर ४/१ अशा व्हड फरकान जैत जोडलें.ह्या खेळांत लेंडोन मेनडोंसान हेट्रीक केली.जाल्यार मेकलीन मास्कारेंनसान एक गोल केलो.सेंट एंथनी स्पोर्टस क्लबावतीन रिस्टन गोमसान एक गोल परतीलो.

इतले मजगतीं,गोंय फुटबॉल संघटनेच्या साश्ट झोन विभागाच्या तीन लीग मेचींत राय स्पोर्टिंग कल्बान आर्लेम युथ असोसियेशनाक ४/२ गोलानी हारयलो.हो खेळ राय पंचायतिच्या मैदानाचेर जालो.

100

काल आनी आयज राज्यांतल्या तापमानांत वाड कायम आशिल्ली.हवामान खात्यान नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान ३१.२ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २४.६ अंश सेल्सियस इतलें नोंद केलां.मुरगांवांत चडांत चड तापमान ३०.२ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २५.२अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां.फुडले स दीस राज्यांत ३१ तें २५ अंश सेल्सियस मजगती तापमान उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान

उक्तायल्या.तेच प्रमाण ह्या स दिसांत राज्यांत मध्यम स्वरूपाच्या पावसाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.गोंयांत १ जून ते ६ स्प्टेंबर मेरेन सरासरी ११५.५ ईंच पावसाची नोंद जाल्या.वयल्या काळांत सांग्यार १५३.३१ईंच,धारबांदोड्या १५१.४६ ईंच,वाळपय १४९ ईंच,जाल्यार केलें वाठारांत १४१.७९ ईंच पावसाची नोंद जाल्या.